Aakashvani PANAJI Regional news 7.25 am 9th November 2025

सुशांत 130

डिजिटल पुरावे हाताळपाची गुंतागुंत सतत वाडत आसता, आनी ते खातीर कायदेशीर वेवसायिकांक सायबर गुन्यांवाची चवकशी करपी नवे तंत्र आनी हेर कायदेशीर बाबी विशीं अद्ययावत रावपाची गरज आसा अशें मत मुंबय उच्च न्यायालयाचे वकील प्रशांत माळी हांणी उक्तायले. दक्षिण गोंय वकील संघटणेन सायबर, फॉरेंसिक आनी इलॅक्ट्रॉनीक पुराव्यासंदर्भात मडगाव हांगा परिसंवाद घडोवन हाडिल्लो. त्या वेळार माळी हाणी गोयच्या वकिलांनाक मार्गदर्शन केलें. हो परिसंवाद मडगाव हांगाच्या रवींद्र भवनात जालो.सायबर फॉरेंसिक मळार कायदेशीर आव्हानां आनी न्यायालयांत इलॅक्ट्रॉनीक पुरावे मान्य करप ह्या विशयाचेर ह्या परिसंवादात चर्चा जाली. आयज 90 टक्के घटस्फोट सोशल मिडियाक लागून जातात अशेंय तांणी सांगलें. ह्या परिसंवादांत गोंयच्या कायदेशीर मळावेल्या जाणकार लोकांनी वांटो घेतिल्लो. दक्षिण गोंय वकील संघटनेचे अध्यक्ष ॲड. प्रसाद नायक, उपाध्यक्ष ॲड. कीव पेस, सचीव ॲड. रोहित शिरोडकर, भांडारी ॲड मारिया डी कोस्ता आनी बायलांच्यो प्रतिनिधी ॲड. लिआ डिनिज आनी हेर लोक हाजीर आशिल्ले.

Rajesh

भगवान बरसा मुंडा हाणीं आपल्या पुराय जीणेंत समाजकार्य केले. जल जमीन आणि जंगल हो त्यांच्या आंदोलनाचो एक मुख्य विषय आसलो. याच विषयाक धरून ताणी आपल्या पुराय जीणेंत आदिवासी तसेच समाजातल्या घटकांच्या उदर्गतीखातीर सदाच आंदोलना केली तांचो आदर्श नजरेसमोर दवरून आज प्रत्येकान समाजा खातीर काम करपाची गरज आसा.हाचेखातीर अशा कार्यावळींची गरज असता असे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी उक्तायला.

साखळेच्या रवींद्र भवनात भगवान बरसा मुंडा यांच्या जयंतीनिमित्त आयोजित केल्या विशेष कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हणून ते उलयताले. ह्यावेळार त्यांच्या सांगतात कला आणि सांस्कृतिक मंत्री रमेश तवडकर ,मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, साखळेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू, रविंद्र भवन चे उपाध्यक्ष दत्तराम चीमुलकर आणि हेर मानेस्त हजर आसले.आपल्या उलोवपांत मंत्री रमेश तवडकर हाणी सांगले की भगवान बरसा मुंडा हाणी आदिवासी समाजाच्या कल्याणासाठी तशेच उदर्गतीखातीर सदाच यत्न केले आणि त्यांच्याच योगदानाक लागून आदिवासी समाजाक समाजात मान सन्मान आणि आदर मेळटा. अशा व्यक्तीची जयंती साजरी करताना आपल्याक खूप खोस जाता असे मत तवडकर हाणी उक्तायलें. हे वेळार हेर मानेस्तांची भाषणां जालीं.

60 गणेश

राज्यांत १३ डिसेंबराक जावपी जिल्लो पंचायत वेंचणुकेच्या आरक्षणाची अधिसुचवणी जारी जाल्ल्यान उमेदवारांचे निवड प्रक्रीयेक गती मेळटली. उत्तर आनी दक्षिण गोंय मेळोन 50 मतदारसंघा पैकी 32 मतदारसंघ आरक्षित आसा जाल्यार 18

मतदारसंघ सर्वसामान्यांखातीर आसा. उत्तरेत 15 जाल्यार दक्षिणेत 17 मतदारसंघ आरक्षित आसा. इत्सुकां कडल्यान तयारी सुरू आसतानाच आरक्षण जाहीर जाला. आता उमेदवारांची निवड प्रक्रीया सुरू जातली, अशें प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी स्पश्ट केलें.

गणेश 85

गोंयच्या कला मोगीं खातीर एक आगळोच कला महोत्सव 10 ते 13 नोव्हेंबर मजगती दि आर्टिस्ट ग्रुप वतीन कला अकादमीत हा आयोजित केल्या.केरळ राज्यांतल्या 36 नामनेच्या कलाकारांचीं कला तातूंत प्रदर्शीत करतले. दरेकी कलाकार आपली खाशेली कला, भावनीक शैली आनी सृजनशील कल्पना माचयेर सादर करतले. पारंपारीक शैलीं सावन आधुनीक कलेच्या वेगवेगळ्या माध्यमांतल्या कलांक लागून ह्या महोत्सवांत प्रेक्षकांक एक वेगळो कला अणभव मेळटलो. कला मोगी आनी सामान्य प्रेक्षक हांचे मदीं संवाद, सृजनशीलताय आनी सहकार्याची नवी दिका निर्माण जातली, अशी आस्त आयोजकांक आसा, अशे ह्या प्रदर्शनाची क्युरेटर रेहना आसा हाणी सांगले.

गणेश

गोंयची फामाद थ्रायथलोन सर्त आयर्नमॅन ७०.०३ फाल्या आयतारा ९ नोव्हेंबराक सुरू जातली. हे सर्तींत संवसारांतल्या ३१ देशांतले सुमार १हजार ३०० सर्तक वाटेकार जातले. धांवप, पेवप आनी सायकल चलोवप ह्या तीन गजालींचो ह्या थ्रायथलॉनांत आसपाव आसा.शुक्रारा पणजे आयर्नमॅन हे सर्तीचो जर्सी आनी मॅडल उक्तावण सुवाळ्या जालो.

आकाशवाणी पणजी सांजें 5 वरांचेर गोवा विद्यापीठाच्या रसायनशास्त्र विभाग सभाघरांत 67वे आकाशवाणी संगीत सम्मेलन घडवोन हाडता.

हतुत नामनेचे कलाकार आपली कला सादर करतले. अस्तंती शास्त्रीय संगीत व्हायोलीन युगल, देब शंकर रॉय आनी ज्योति शंकर रॉय सादर करतले . मराठी नाट्यसंगीत प्राची प्रदीप जठर जाल्यार कोंकणी गीता डॉ शकुंतला भरणे सादर करतल्यो . ह्या कार्यावाळीक  चडात चड लोकांनी  हाजीर रावचे अशे आकाशवाणी पणजीच्या महासंचालकानी मागला .

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान 31 औंश सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे  तापमान २४ औंश  सेल्सिअस नोंद जाला.